# गोंयांत 3 ते 6 डिसेंबर मेरेन आंतरराष्ट्रीय लुसोफोन महोत्सवाचे आयोजन

ता. 30 नोव्हेंबर 2022

विदेश वेव्हार मंत्रालयान भारतीय सांस्कृतिक संबंध परिशद आनी गोंवा सरकाराच्या सहकार्यान 3 ते 6 डिसेंबर 2022 मेरेन गोंयांत आंतरराष्ट्रीय लुसोफोन महोत्सवाचे आयोजन केला. रत आहे. ह्या महोत्सवाच्या माध्यमातल्यान भारत लुसोफोन जगाकडेन जोडटलो.

आंतरराष्ट्रीय लुसोफोन महोत्सवाचे उक्तावण 3 डिसेंबर 2022 दिसा गोंयचे मुख्यमंत्री श्री प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं दरबार हॉल, राजभवन हांगा जातले. श्रीमती मीकाक्षी लेखी, विदेश वेव्हार आनी सांस्कृतिक राज्यमंत्री श्रीमती मीकाक्षी लेखी ह्यो कार्यक्रमाक सन्माननीय अतिथी आसतल्यो.

महोत्सवात सीपीएलपी देशांतल्या सांस्कृतिक पंगडांवतीन गोंयांत ईएसजी कॉम्प्लेक्स, आझाद मैदान, संस्कृती भवन, इन्स्टिट्यूट मिनेझिस ब्रागांझा आनी हेर कडेन कार्यक्रमांचे सादरीकरण जातले. महोत्सवाचो एक भाग म्हूण कलाकांर आनी स्वयंसेवकांखातीर लुसोफोन संगीताचेर कार्यशाळां, इतिहासीक नोंदींच्या छायाप्रतींचेर कार्यशाळा आनी प्रदर्शन, गोंयची वास्तूकला, हस्तकला आनी फर्निचर प्रदर्शनाचेय आयोजन करतले. तशेंच लुसोफोन फूड अँड स्पिरिट्स प्रदर्शनात भारत आनी लुसोफोन जगातल्या खाद्य संस्कृतीचे प्रदर्शन आसतले.

तशेंच "इंडियाज आउटरीच टू द ग्लोबल साउथ – एक्सप्लोरिंग कन्व्हर्जन्स विथ CPLP" आनी "इंडिया-लुसोफोन हिस्टोरिकल अँड कल्चरल लिंकेज: रेट्रोस्पेक्ट अँड प्रॉस्पेक्ट्स" ह्या विशयाचेर गोलमेज चर्चासत्र जातले.

गोंयचे लुसोफोन जगाकडेन इतिहासिक संबंध आसात. भारतात पोर्तुगीज भास आनी संस्कृतीक प्रोत्साहन दिवपा खातीर ओरिएंट फाऊंडेशन आनी कॅमोज इन्स्टिट्यूट सारख्या पोर्तुगीज सांस्कृतिक संस्थांच्या माध्यमातल्यान प्रयत्न जातात आनी अशां प्रयत्नांतल्यान आमचे आर्थिक, सांस्कृतिक आनी सामाजीक संबंध CPLP वांगडी देशांकडेन मजबूत जाल्ले आसात. अंगोला, ब्राझील, काबो वर्दे, गिनी बिसाऊ, मोझांबिक, पोर्तुगाल, साओ टोम ए प्रिंसिपे, तिमोर लेस्टे, इक्वेटोरियल गिनी, भारत अशें देश लुसोफोन जगाचे वांगडी आसात.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/738

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji